# मुख्यमंत्र्यान मान्सूनपूर्व तयारीचो नियाळ घेतलो

ता. 15 मे 2023

लोकांक सुरक्षितत‍तायेची खात्री दिवन गोंय हे आपत्ती प्रतिबंध राज्य करपा खातीर सरकार आवश्यक तयारी आनी उपाय येवजण करपाखातीर कटीबध्द आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या बसकेत महसूल मंत्री श्री आतानासियो मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत संबंधीत अधिकाऱ्यांकडल्यान मान्सूनपूर्व तयारीचो नियाळ घेतना सांगलें.

गोंय हे दर्यादेग वाठारातले राज्य आशिल्यान सैमीक तशेंच मानव निर्मित अशा दोनीय तरेच्या आपत्तीक तोंड दिवचे पडटा आनी त्या खातीर पावसाळ्यात कसल्याय आपत्तीक फुडो करपाची तयारी आनी उपाय करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सैमिक आपत्तीक आडावप आमच्या हातात नासले तरी अशा आपत्तीची शक्यता लक्षात घेवन वेळार योग्य उपाय करून जीवित आनी मालमत्तेचे लुकसाण कमी करप शक्य आसा. हालीच्या काळात गोंयांत अनेक वाठारांत चक्रीवादळ आनी पूर येवपाच्यो घडणूको जाल्यात. तशेंच उद्देगीक आनी आनी हेर आस्थापनांनी उजो लागपाच्यो घडणूको घडल्यात. आमची योग्य तयारी आशिल्ल्यान उजो लागपाच्या आपत्तीचेर नियंत्रण दवरप आमका शक्य जाले. आपत्तीचो धोको लक्षात घेवन आमी सादूरताय बाळगूपा वांगडाच योग्य नियंत्रण उपाय करपा खातीर सगळ्यां संबंधीत यंत्रणांमदी योग्य समन्वय आनी सहकार्याची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पावसाळ्यात येवपी सैमीक आनी हेर आपत्तीचेर नियंत्रण दवरपाखातीर लोकांचेय सहकार्य म्हत्वाचे आसा आनी त्या खातीर लोकांनी आपूण जावन फुडे सरून आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणांक मदत करपाची गरज आसा. तशेंच अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवां अधिकाऱ्यांनी प्रशिक्षित आपदा मित्र आनी आपदा सखींची नियुक्ती करपाची सूचोवणी मुख्यमंत्र्यान केली. पावसाळ्यात साथीच्या रोगांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर भलायकी सेवा विभागान आवश्यक उपाय करपाचीय सुचोवणी मुख्यमंत्र्यान केली.

महसूल मंत्री श्री आतानासिओ मोन्सेरात हांणी संबंधीत अधिकाऱ्यांक सतर्क रावन कसल्याय आपत्तीक तोंड दिवपाक तयार रावपाक सांगलें. दर्यादेग वाठारांत चक्रीवादळ, पूर अशां आपत्तीच्या घडणूकांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर आवश्यक उपाय करपाचो सल्लो तांणी अधिकाऱ्यांक दिलो.

मुख्य सचीव श्री पुनीतकुमार गोयल, महसूल सचीव श्री संदिप जॅकिस, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती. मामू हागे, म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर; उदकास्त्रोत खात्याचे मुख्य अभियंता श्री प्रमोद बदामी; तटरक्षक दळाचे अधिकारी कमांडन्ट आशिष खोसला; भौशीक बांदकाम, राष्ट्रीय आपत्ती बचाव दळ आनी हेर विभागांचे अधिकारी बसकेक उपस्थित आशिल्लें.

अवर सचीव श्रीमती सपना बांदोडकर हांणी पॉवर पॉइंट प्रेझेंटेशना वरवीं आपत्ती वेवस्थापन तयारी आनी उपायांची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/406

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.